2018 VI 21 | 0230 | Seat No. :

Time : 2½ Hours

KONKANI (T.L.)

Subject Code

| S | 1 | 3 | 2 |
|---|---|---|---|

Total No. of Questions : 8 (Printed Pages : 7) Maximum Marks : 80

**सुचवण्यो :** *i) दरेका प्रस्नाची जाप नव्या पानार सुरू करची.*

*ii) प्रस्न आनी उप-प्रस्नांचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.*

*iii) सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.*

*iv) उजवे वटेन बरयिल्ले आंकडे प्रस्नाचे वट्ट गूण धरचे.*

1\. क) सकयल दिल्ल्या पर्यायांतल्यान फावो तो पर्याय विधाना मुखार जोडून वाक्य पुराय करुन बरयात : [3]

अ) कोणूय सवायशीण बायल भरिल्लें ताट घेवन शिगम्याचे खेळगडे खेळटात त्या आंगणात येता आनी

1) खेळगड्यांच्या हातांत धोल-तासो दिता

2) खेळगड्यांच्या हातांत साकर दिता

3) खेळगड्यांच्या हातांत आरत दिता

आ) दोतोर गॉमिश आपलें काम करचें करुन वेळ मेळटालो तेन्ना

1) संवसारांतल्या व्हड बरयणारांचीं पुस्तकां वाचतालो

2) संवसारांतल्या व्हड राजकर्त्यांचें जिवित बरयतालो

3) संवसारांतल्या व्हड विचारवंतांच्यो भेटो घेतालो

इ) आख्खो गांव आयज इगर्जेंत वचपाचे तयारेक लागिल्लो कित्याक तर

1) सायमन पाद्री आयज आपले आवयक येवन मेळपाचो आसलो

2) सायमन पाद्री आयज आपलें पयलें मीस सांगपाचो आसलो

3) सायमन पाद्री आयज बांयंत पडिल्ल्या भुरग्याक वाटावपाचो आसलो

ख ) सकयल दिल्लीं विधानां कंवसांत दिल्ल्या पाठांच्या बरोवप्यांचीं आसात. तीं वळखून त्या पाठांच्या बरोवप्यांचीं नांवां बरयात : **[2]**

(शणैं गोंयबाब, दत्ता दामोदर नायक, फा. फ्रेडी जे. द. कॉस्ता)

अ) फुलांचे पाटल्यार पाटले विमानात बसून समुद्रपार जातात.

आ) रोंपे वाडत वताले आनी सांगो फुट्टाल्यो.

ग) सकयल दिल्लीं **खंयचींय तीन** विधानां कोणें कोणाक म्हणल्यांत तें बरयात : **[3]**

अ) “भारत भुंयेचो म्हाका सदांच अभिमान दिसता”.

आ) “शेणकांक धरपाक पयलीं शेणकां आसूंक जाय”.

इ) “तुकां अजीर्ण जालांशें दिसता”.

ई) “कितें कितें म्हूण करतलें म्हजें बाय म्हजेखातीर ?”

2. क) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय चार** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी **8** ते **10** उतरांनी बरयात : **[4]**

अ) पाटयो आसून लेगीत रस्ते खंय वतात ते कित्याक वळखूंक येना अशें बरोवपी गांवकार म्हणटा ?

आ) संवसारातलें सगळ्यांत व्हडलें पातक कितें ?

इ) भुंयकांपांतल्यान राखण करपाक सुरक्षीत उपाय खंयचो ?

ई) शेजारी कानांत कितें घालून आयिल्ले ?

उ) नागवें-वेर्णे पावतकच बरोवप्यान कसली अजापाची गजाल पळयली ?

ख) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी **40** ते **45** उतरांनी बरयात : **[8]**

अ) जाणटेलो शेजाऱ्याक कित्याक आदार करतालो ?

आ) पाश्चात्य देशांतल्या लोकांचे फुलांचे पिशें कशे तरेन दिसून येता ?

इ) कल्पनान आपली शिक्षणीक वाटचाल कशी केली ?

3. क) सकयल **'ब'** गटांत कवितेचीं कडवीं दिल्यांत आनी **'भ'** गटांत तांचो अर्थ दाखोवपी वाक्यां दिल्ल्यांत. त्या त्या कडव्या मुखार योग्य अर्थ बरोवन वक्यां जुळयात : **[2]**

| **'ब'** | **'भ'** |
|---|---|
| अ) वडा तुवे अनंत वर्सां झेल्ले साबार पावसाळे | 1) तुजें ध्येय एक लाख रूपयांचें आसा |
| आ) गोंधळूं नाकां ध्येय तुजें लाख मोलाचें | 2) वडाक झेलिल्ले पावसाळे पुरो जाले |
| | 3) तुजें ध्येय खूब महत्वाचें आसा |
| | 4) वडान कितलींशींच वर्सां आपल्या आंगार पावसाळे घेतले |

ख) सकयल दिल्ल्या कवितेच्या वळींतल्यो रित्यो सुवाती कंवसांत दिल्ल्या फावो त्या उतरांनी भरून वळी परत बरयात : **[2]**

अ) भारतीय सगले आमी ____________आमचो एक.

(जीव/प्राण/आत्मो)

आ) तुजी चीर ____________म्हज्या समेस्त पेल्यांच्या काळजांत रूजूं दी.

(सोसणीकाय/समजीकाय/सोशीककाय)

ग) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी **8** ते **10** उतरांनी बरयात : **[2]**

अ) सवण्यांचो घोंटेर खंय आसा अशें कवी उदय भेंब्रे म्हणटा ?

आ) आमी कोणाची देख घेतल्या अशें 'आत्मो आमचो एक' हे कवितेंत कवी सांगता ?

इ) घोंटेराक कोण काडयो वेंचता ?

घ) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय तीन** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी **20** ते **25** उतरांनी बरयात : **[6]**

अ) भुरग्यान आपले मांयखातीर कितें करूंक जायना ?

आ) सैमांतली विज्मितांची काणी सोंपना अशें कवी कित्याक म्हणटा ?

इ) 'सुकती रे भरती रे जिणेची रीत रे' हे वळींतल्यान कवी कितें सांगूंक सोदता ?

ई) कवी प्रकाश पाडगांवकार वडाकडेन कसलें मागणे करता ?

4. क) सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंवसांत दिल्ल्या वाक्प्रचारांचो वापर करुन विधानां परत बरयात : **[2]**

(कानार पडप, रातीचे दीस करप, घर जागें जावप, तोंड वाकडें करप)

अ) हातांत घेतिल्लें काम पुराय करपाक खूब कश्ट करचे पडटात.

अ) कोंब्यासादा पयलींच सायमनाल्या घरांतले सगळे लोक उठले.

ख) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** उतरांचीं उरफाटया अर्थांचीं उतरां बरयात : **[2]**

अ) पिसो

आ) जाणटो

इ) मान

ई) आलतड

ग) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** उतरांचीं विशेशणां करुन बरयात : **[2]**

अ) मस्तेपण

आ) लांबाय

इ) समाज

ई) भारत

घ) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** उतरांचीं भावनामां करुन बरयात : **[2]**

अ) दुख्खी

आ) शिटूक

इ) वायट

ई) धाडशी

5. क) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय स** वाक्यांत कंवसांत दिल्ले सुचवणें प्रमाण बदल करुन बरयात : **[6]**

अ) तुमी बाजारांत वचात.

(वचन बदलून वाक्य बरयात)

आ) आमचें आंग बरें घोळटालें.

(वर्तमानकाळात बरयात)

इ) तिणे आपल्या पुताचेर <u>बरे</u> संस्कार <u>केले</u>.

(कुरू केल्ल्या उतरांच्यो जाती बरयात)

ई) ट्रक लागीं पावतकच हांवें हात दाखयलो.

(अव्यय वापरून दोन विधानां करात)

उ) तंय कांय बुरगे उबे आशिल्ले.

(वाक्य शुद्ध करुन बरयात)

ऊ) कुवाडीं सोडोवप सामकें सोंपे.

(अर्थ बदलिनासतना वाक्य न्हयकारी करात)

ए) भूरगें गेलें आवयसरीं धांवत तें.

(उतरांची फावो तशी मांडणी करुन वाक्य परत बरयात)

ख) सकयल दिल्लीं **खंयचींय दोन** अव्ययां वापरून दरेकी **एक-एक** वाक्य घडोवन बरयात : **[2]**

अ) पयस

आ) खातीर

इ) वा ! वा!

6. क) सुरेश शाळेत येवंक ना म्हूण सांतान ताका मेळपाक गेला. तांचेमदी जाल्लो संवाद तुमच्या उतरांनी पुराय करुन परत बरयात : **[4]**

सुरेश : सांतान यो मरे ! म्हजे खबरेक आयला ?

सांतान : ______________________________

सुरेश : म्हाका बरोच जोर आयलो मरे !

सांतान : ______________________________

सुरेश : म्हज्या दादान म्हाका रोखडोच दोतोरागेर व्हेलो.

सांतान : ______________________________

सुरेश : आतां हांव बरो आसा. तुका देंव बरें करू.

सांतान : ______________________________

ख) एक नवो भोंवडेकार गोंयच्या शाराविशीं पुलीसाकडेन वासपूस करता तेन्ना तांचे मदीं जाल्लो संवाद **5** ते **6** वळींनी बरयात. **[4]**

7. क) सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात:

इंटरनेट मनशाच्या जिविताचें एक म्हत्वाचें आंग जालां. शिकापी भुरग्यांचें, तरणाटयांचें, जाणटयांचें, गिन्यान वाडोवपाचें, करमणुकीचें, संपर्काचें साधन जावन बसलां. समाजीक मळार, अर्थीक मळार, शिक्षणीक मळार, राजकी मळार, वेपार धंद्याच्या मळार, संरक्षणाच्या मळार, हेरगिरीच्या मळार अशा सगळ्यां मळांर इंटरनेटाचो आमकां उपेग जाता. फुडें फुडें तर ताज्या पालवा बगर आमच्यांनी पावल फुडें घालपाक जावचें ना. ह्या तंत्रगिन्यानान मनीस मनशाक लागीं येता. गांव गांवाक लागीं येता. देश देशाक लागीं येता. इंटरनेटाची अख्ख्या मनीसजातीक देणगी म्हणल्यार इ-मेल.

**प्रस्न:**

अ) आयच्या काळार इंटरनेट कसलें साधन जावन बसलां ? **[1]**

आ) इंटरनेटाकलागून कितें कितें लागीं येता ? **[1]**

इ) इंटरनेट आमकां खंयच्या मळार उपेगी जाता ? **[1]**

ई) इंटरनेटान मनीसजातीक कसली देणगी दिल्या ? **[1]**

उ) वयल्या उताऱ्याक फावोसो माथाळो बरयात. **[1]**

ख) सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचो कोंकणीत अणकार बरयात : **[2]**

It is wrong for one to fleep another's property against the owner's wish. If it is so, we should at once return the property to the owner.

ग) सकयल दिल्ल्या मुद्यांच्या आदारान योग्य माथाळो दिवन सुमार **100** उतरांनी काणी बरयात : **[5]**

राजा शिकारेक वचप-वाटेर म्हातारो झाडां रोयता तें पळोवप - राजान विचारप, "रोयता त्या झाडाचीं फळां खावंक वाचतलो ?" - "पूर्वजानी रोयिल्ल्या झाडांचीं फळां हांव खातां - फुडले पिळगेखातीर हांव रोयतां." म्हाताऱ्याची जाप - राजा प्रसन्न जावप - राज्यांत सगळ्यांक झाडां रोवपाची आज्ञा दिवप. देख.

8. क) तूं जॉय/जॉनी डायस आसा. रावता 63/4, म्हापसा-गोंय. हांगासावन आपल्या इश्टाक /इश्टिणीक कोंकणी खबरांपत्रां वाचपाचे फायदे सांगपी चीट बरय. **[5]**

**वा**

तूं फ्रांसीस्क/लुईजा आगियार, वाडी, तळावली फोंडें -गोंय हांगा रावतां. हांगासावन गांवच्या भलायकी केंद्राक चीट बरोवन गांवांतले नितळसाणेचेर खासा लक्ष दिवपाची विनवणी करपी चीट बरय. **[5]**

ख) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय एका** विशयाचेर सुमार **150** उतरांनी निबंद बरयात : **[7]**

अ) सैम आमचें जिवीत.

आ) दूरदर्शन-एक वरदान.

इ) बसस्टँडार एक वर.

ई) इबाडिल्ल्या रस्त्याची आपजीण.